# नीट परीक्षा दिवपी विद्यार्थ्यां खातीर कदंब बस सेवेची वेवस्था

ता. 18 जून 2026

कदंब येरादारी म्हामंडळान 21 जून दिसा विविध परीक्षा केंद्रांचेर नीट परीक्षा दिवपी विद्यार्थ्यां खातीर कदंब बस सेवेची वेवस्था केल्या. विद्यार्थ्यांक परीक्षा केंद्रांचेर वेळार पावपाक मजत जावची म्हूण ही वेवस्था केल्या. पणजी ते कुजीरा-बांबोळी स्कुल कॉम्पलेक्स, पणजी ते केंद्रीय विद्यालय, बांबोळी, पणजी ते आयएनएस मांडवी, बेती वेर, म्हापशें ते सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी, म्हापशे, म्हापशे ते संत सोयरोबानाथ आंबीये सरकारी म्हाविद्यालय पेडणे, साखळी ते सरकारी म्हाविद्यालय, साखळी, मडगांव ते एनआयटी कुंकळ्ळी, फोंडा ते केंद्रीय विद्यालय, फोंडा, वास्को ते केंद्रीय विद्यालय-1 दाबोळी आनी केंद्रीय विद्यालय-2 दाबोळी वास्को अशी बस वेवस्था आसतली. वयर नमूद केल्ल्या संबंदीत बस स्टॅण्डा वयल्यान सकाळी 9.30 वरा सावन बस सेवा सुरू जातली. नीट परीक्षा दिवपी विद्यार्थ्यांनी ह्या सेवेचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/434

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.